# युवा महोत्सव-2017

ता. 20 नाव्हेंबर 2017
29 कार्तिक 1939

खेळ आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन राज्यातल्या तरणाट्यांक माची उपलब्ध करून दिवपाखातीर विभागीय पातळीचेर युवा महोत्सवाचे सकयल्या प्रमाण आयोजन केला.

विभाग-1, पेडणे, बार्देस, तिसवाडी ता. 21 आनी 22, 2017, शेतकरी सहकारी संस्था, पेडणे, विभाग-2, दिवचल, सत्तरी, धारबांदोडा ता. 24 आनी 25 नोव्हेंबर 2017, रविंद्र भवन, साखळी, विभाग-3 साश्ट, मुरगांव, फोंडे ता. 6 आनी 7 डिसेंबर 2017 रविंद्र भवन वास्को, विभाग-4 काणकोण, केपे, सांगे ता. 28 आनी 29 नोव्हेंबर 2017 रविंद्र भवन कुडचडे आनी राज्य पातळीवयलो 16 वो राज्य युवा महोत्सव ता. 13 आनी 14 डिसेंबर 2017 दीसा राजीव गांधी कला मंदिर फोंडे हांगा आयोजित करतले.

पयल्या दिसा सगळ्या केंद्राचेर लोकनृत्य, एकांकिका, वक्तृत्व, शास्त्रीय गायन, पेटीवादन, बासरी वादन सर्त जातली. दुसरे दिसा लोकगीत, भरतनाट्यम, कथक, सतारवादन, तबला आनी गितारवादन सर्त जातली.

महोत्सवात सहभागी जावपाक प्रवेशिका तालूक्याचे एपीईओ कार्यालय वा खेळ आनी यूवा वेव्हार खाते, कांपाल पणजी हांगा (ई. मेल वळी-ींीी.सेरऽपळल.लो,सेर.वीूरऽसारळश्र.लो) सूपूर्द करच्यो.

तरणाट्यांच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर पोशक वातावरणा तयार करपाखातीर खात्यावतीन वेगवेगळ्यो सर्ती आयोजित करपात येता. युवा महोत्सव हो एक म्हत्वाचो उपक्रम आसा.